# उद्देगीक कामगारांखातीर कामगार कल्याण मंडळाच्यो येवजणो

ता. 20 जून 2017

30 ज्येष्ठ 1939

राज्यातल्या उद्देगीक कामगारांच्या फायद्याखातीर गोंय कामगार कल्याण मंडळावतीन साबार येवजणो राबोवपात येता. कामगारांच्या शाळेत वचपी भुरग्यांखातीर चोपड्यो, पुस्तका, गणवेश खरेदी करपाखातीर अर्थीक मजत दितात तशेंच शाळा आनी महाविद्यालयांनी शिकपी भुरग्यांक शिश्यवृत्तीय दितात. हे येवजणेचो लाव घेवपाखातीर कामगारांनी आपल्या मालकामार्फत सचिव, गोंय कामगार कल्याण मंडळ, श्रमशक्ती भवन पाटो पणजी ह्या नाम्याचेर अर्ज करचे. कामगार सतत स म्हयने कामाक आसपाक जाय आनी म्हयन्याचो पगार 20 हजार रूपयापरस चड आसपाक जायना. ह्या येवजणांखातीर अर्ज सुपूर्द करपाची निमणी तारीख 30 सप्टेंबर 2017 आसा.

तशेंच मंडळावतीन उद्देशीक आस्थापनां, कामगार कल्याण केंद्रा, क्लब, मनोरंजन केंद्राक टी. व्ही. संच पुरवण, कामगाराखातीर वकला खरेदी करपाक, महिला कामगाराक जल्मल्ल्या भुरग्यांची काळजी घेवपाक, खेळ आनी समाजिक-सांस्कृतीक कार्यक्रमाखातीर, भुरग्यांच्या अभ्यास दौऱ्याखातीर, पाळणाघर सुविधाखातीर, मनोरूग्ण भुरग्यांच्या उपचाराखातीर, वाचनालय आनी हेर सुविधाखातीर अर्थीक मजत दिवपाच्यो येवजणो राबोवपात येता. ह्या येवजणांखातीर अर्ज करपाक वेळ मर्यादा ना.

कामगारांनी अर्ज आनी चड म्हायतीखातीर मंडळाच्या कार्यालयात संपर्क करचो. कामगारांनी आपल्या मालकामार्फत सचिव, कामगार कल्याण केंद्र, श्रमशक्ती भवन, चौथो माळो पाटो-पणजी ह्या नाम्याचेर अर्ज करचे.